आकाशवाणी पणजी

११.०१.२०२५ प्रादेशिक खबरो सकाळी ७.२५

सरकारच्या येवजणेक लागून राज्याच्या गावगिऱ्या अर्थवेवस्थेचे प्रमाण वाडत आसा. गावगिऱ्या वाठारातल्यो बायलो स्वयंपूर्ण जायत आसा, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें. राज्याच्या गावगिऱ्या अर्थवेवस्थेच्या अहवालाचे विमोचन मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे हस्तुकी जाले. टाटा इन्स्टिट्यूट ऑफ सोशय सायन्स संघटणेन गोवा लायवलीहूड फोरमच्या सहकार्यान हो अहवाल तयार केला.राज्यांत २०२० ते २०२४ ह्या ४ वर्सांनी ५० टक्के निश्क्रीय आशिल्ले स्वयंसाहाय्य गट सक्रीय जाल्यात. तशेंच ह्याच काळांत स्वयंसाहाय्य गटांत घरकाम करपी मनीस ६० टक्क्यांनी वाडल्यात.कैंद्र आनी राज्य सरकाराच्या विवीध येवजण्यांक लागून गांवगिरी अर्थवेवस्था चालीक लावपाक बायलांचो फुडाकार मेळ्ळा. स्टार्ट अप वीलेज एंट्रेप्रेनरशीप प्रोग्राम, प्रधानमंत्री मायक्रो फूड प्रोसेसींग एंटरप्रायझेस सारकिल्ल्या येवजण्यांच्या कारवायेक लागून गांवगिरी अर्थवेवस्था चालीक लागिल्ल्याचें मुखेलमंत्र्यांनी सांगलें. गोंय राज्य ग्रामीण लायवलीहूड मिशनांत चार वर्सांनी ग्रामीण संघटनांचो वांटो १३१ टक्क्यांनी वाडला. स्टार्ट अप विलेज एंट्रेप्रेनरशीप कार्यावळींत (एसवीईपी) ५५६ टक्क्यांनी वाड जाल्या. प्रधानमंत्री मायक्रो फूड प्रोसेसींग एंटरप्रायजीस (पीएमएफएमयी) चो लाव घेवप्यांचें प्रमाण ४ वर्सांनी २५१ टक्क्यांनी वाडलां. ह्या वेळार ग्रामीण विकास मंत्री गोविंद गावडे हजर आशिल्ले.

---

एनआय ओस्थापणूक दीस

शाश्वत उदरगतीचें ध्येय साध्य करपा खातीर दर्यांत चड संशोधन करपाची गरज आसा अशें मत कैंद्रीय धर्तरी विज्ञान खात्याचे सचीव डॉ. एम. रामचंद्रन हांणी उक्तायलें. शुक्रारा दोना पावलच्या नॅशनल इन्स्टिट्यूट ऑफ ओशनोग्राफीच्या 60व्या वर्धापन दीसा निमतान आयोजीत केल्ले कार्यावळींत ते उलयताले. ह्या वेळार संस्थेचे संचालक डॉ. सुनील कुमार सिंग, राष्ट्रीय प्रगत शिक्षण संस्थाचे संचालक डॉ. शैलेंद्र नायक आनी हेर अधिकारी हाजीर आशिल्ले.संवसारांतल्या 72 टक्के वाठारांचो आस्पाव आशिल्लो हो दर्या मनशांक खूब उपेगी पडटा. हाका लागून आमकां अन्न आनी खनिजां मेळटात. धर्तरेवयलो चडसो ऑक्सिजन सूक्ष्म दर्यांतले जीव तयार करतात. धर्तरेचे हवामान दर्या नियंत्रीत करता. तशेंच पर्यटन, उदका येरादारी, सुरक्षीततताय हांचे खातीरय दर्या उपेगी पडटा. पूण आतां मेरेन मनशान फकत 5 टक्के खोल दर्याचो सोद लायला. ९५ टक्के वाठारांनी अजूनय संशोधन जावपाची गरज आसा अशें डॉ. रामचंद्रन हांणी सांगलें.अत्याधुनीक तंत्रगिन्यानाचो उपेग करून दर्यांतल्या साधनांचो सोद घेवपाक जाय. दर्यांत नवी खनिजां मेळपाची शक्यताय आसा. दर्याच्या ल्हारांपसून उर्जा निर्माण करप शक्य आसा. करवत्ती हांगा खाऱ्या उदकापसून गोड उदक तयार करपाचो प्रकल्प सुरु आसा.

प्रसार भारती खबरा विभागा वतीन आकाशवाणी पणजी केंद्राचेर पूर्ण वेळ कंत्राटी पद्धतीचेर काम करपाक कार्यकारी संपादक म्हण एक तशेच अनुवादक- खबरावाचक म्हण एक अशा दोन सुवातींचेर दोन वर्सा खाती खातीर काम करपाक अर्ज मागयल्यात. ही सेवा शुध्द कंत्राटी तत्वाचेर आसतली आणि म्हयन्याक विना अट ४० ते ५० हजार एकत्र पगार आसतलो. हेर म्हाईती खातीर , अटी आनी तपशिलाखतीर प्रसारभारतीच्या संकेतथळावेलो रिक्त पदांचो घोशणा विभाग पळोवचो

---

आदिवासी कल्याण खात्यावतीन अनुसूचीत जमातीतल्या (एसटी) विद्यार्थ्यांक अर्थीक मजत दिवपा खातीर गगन भरारी शिक्ष येवजणेची अंमलबजावणी करपात येता. हे येवजणेचो लाव घेवपा खातीर खात्यान अनुसूचीत जमातीतल्या (एसटी) विद्यार्थ्यां कडल्यान 15 जानेवारी 2025 मेरेन ऑनलायन अर्ज मागयल्यात.

हे येवजणे खाला अनुसूचीत जमातीतल्या विद्यार्थ्यांक जेवण आनी प्रवास खर्चा खातीर अतिरिक्त अर्थीक मजत दितात. तशेंच अनुसूचीत जमातीतल्या दिव्यांग विद्यार्थ्यांक खर्चा खातीर अतिरिक्त अर्थीक मजत दितात. गोंय राज्यांतल्या अनुसूचीत जमाती समाजांतले विद्यार्थ्यी, जांच्या कुटुंबाची वर्सुकीं येणावळ पाच लाख रूपया (Rs.5,00000/-) परस चड ना आनी मान्यताप्राप्त संस्थेत मॅट्रीक उपरांतच्या अभ्यासक्रमात शिकतात, अशें विद्यार्थी हे येवजणेचो लाव घेवपाक पात्र आसात. तशेंच विद्यार्थ्यी नियमीत आनी पुर्ण वेळ विद्यार्थ्यी आसपाक जाय.

---

राना खात्यान 17 ते 19 जानेवारी 2025 मेरेन काणकोण म्हालातल्या खोतिगांव वन्यजीव अभयारण्यांत 8 व्या गोंय पक्षी महोत्सवाचे आयोजन केला. तीन दिसांच्या महोत्सवात पक्षीप्रेमी आनी वन्यजीव जाणकारांक गोंयच्या समृध्द अशां सुकण्यांच्या जीणेचो अभ्यास करपाची संद मेळटली.